**प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 चो राज्यांत शुभारंभ**

ता. 20 जानेवारी 2021

कुशळटाय विकास सचिव श्री. सी. आर. गर्ग हांणी आयज कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान पणजे मिनेझीस ब्रागांझ सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 चो शुभारंभ केलो. उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी आनी जिल्हा कुशळटाय समितीच्यो अध्यक्षा श्रीमती आर. मेनका, राष्ट्रीय प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण केंद्राचे अधिकारी कॅप्टन कौस्तुव नाथ, गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाचे संचालक श्री. दिपक देसाय, पालवी संचालक श्री. राजेश लोलयेकर आनी व्ही. एम. कांबळी कार्यक्रमाक हाजीर आशिल्ले.

प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 च्या कार्यक्रमातल्यान सोलर टेक्निशन, पर्यटन, सरबराय अशा अल्प मुजत अभ्यासक्रमांचे प्रशिक्षण दितले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गर्ग हांणी प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण विद्यार्थ्यांक आपली कुशळटाय वाडोवपा खातीर भांगराची संद आशिल्ल्याचे सांगून नोकरे फाटल्यान धावनासतना स्वताचो वेवसाय करपाचेर भर दिवपाक सांगले. थळाव्या उद्देगांक आवश्यक मनीसबळ उपलब्ध करपा खातीर अभ्यासक्रम सुरू केल्ले खातीर तांणी कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाचेय अभिनंदन केले.

श्रीमती आर. मेनका हांणी विद्यार्थ्यांक आपली कुशळटाय वाडोवपा खातीर वेगळ्या वेगळ्या अभ्यासक्रमांचे प्रशिक्षण घेवपाक सांगले.

ह्या वेळार विद्यार्थ्यांक स्किल किट भेटयले. तशेंच प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 खाला अभ्यासक्रमांचे आयोजन करपी आयटीआय केंद्रांक आनी उद्देगांच्या प्रतिनिधींक प्रशस्तीपत्रां भेटयली.

सुरवातीक कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाचे संचालक श्री. दिपक देसाय हांणी येवकाराचे उलवप केले. कॅप्टन कौस्तुव नाथ हांणी प्रधानमंत्री कौशल्य विकास येवजण 3.0 ची म्हायती दिली. तर श्री. अलशय शिरवयकार हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/95

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji